**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दुर्गा पुजेची परबीं**

ता. 19 ऑक्टोबर 2023

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दुर्गा पुजा उत्सवाच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दुर्गा पुजा हो भारतातलो एक व्हड उत्सव आसा, जो व्हडा दबाज्यान आनी उमेदीन मनयतात. सद्‌गुणांनी वायट शक्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आशिल्लो हो उत्सव दुर्गा माता देवीन महिसासूर नावाच्या राक्षसाचेर मेळयिल्लें जैत मनयतात.

माता दुर्गा शक्तीस्वरूप आसा आनी हो उत्सव नारीशक्तीचो आदर करपाची संद आसा. दुर्गा पुजा सद्‌गुणांनी वायट शक्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताची ईश्वरी भावना आसा आनी बऱ्या फुडाराची आस दाखयता. दुर्गामाता अगाध शक्तीची देवता आसून तिची अनेक रूपां आसात.

दुर्गा पुजा उत्सवाच्या प्रसंगार हांव माता दुर्गा देवीलागी आमकां सगळ्यांक खुशालकाय आनी भरभराटीच्या जीणेखातीर आशिर्वाद दिवपाची प्रार्थना करता, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/821

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.